# लोकांच्यो कागाळीं जाणून घेवपा खातीर 'सीएम हेल्पलायन' सुरू

ता. 16 ऑगस्ट 2024

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी काल सरकारी खात्यासंबंदीत लोकांच्यो कागाळीं जाणून घेवपा खातीर 'सीएम हेल्पलायन' चो शुभारंभ केलो. लोकांक पारदर्शक सेवा दिवप आनी लोकांच्यो कागाळीं वेळार सोडोवपा खातीर ही हेल्पलायन सुरू केल्या. भौशीक गाराणीं खात्याक राज्यपाल, मुख्यमंत्री, मुख्यसचीव, सचीव आनी हेर कचेरींतल्यान पत्रां, ई-मेल, ऑनलायन, व्हॉटसॅप, टेलिफोन, हेलो गोंयकार अशा माध्यमां वरवीं कागाळीं येतात.

लोकांच्यो कागाळीं जाणून घेवपा खातीर आता 'सीएम हेल्पलायन' सुरू केल्या आनी ह्या हेल्पलायनीचो नंबर- 9319828581 असो आसा. सध्या ह्या हेल्पलायन नंबरावयल्यान पुलीस, वीज, उदकास्त्रोत, भलायकी, बायला आनी भुरगीं उदरगत, समाज कल्याण आनी भौशीक बांदकाम खात्यासंबंदीत कागाळीं स्विकारपात येतल्यो. सोमार ते शुक्रार सकाळी 9.30 ते सांजेची 5.30 मेरेन कागाळीं स्विकारतले. तशेंच कागाळदाराक 72 वरांभितर कागाळीच्या कारवायेविशीं म्हायती मेळटली.

आल्तिन हांगाच्या जीएसटी भवनात आयोजीत 'सीएम हेल्पलायन' लॉंच कार्यक्रमाक प्रधान वित्त सचीव डॉ. व्ही. कांदेवेलू, भौशीक गाराणीं सचीव श्री. सरप्रित सिंग गील, भौशीक गाराणीं खात्याचे संचालक श्री. प्रसाद वळवईकर, डीजीपी आलोक कुमार, नियोजन आनी सांख्यिकी खात्याचे संचालक विजय सक्सेना, उदकास्त्रोत खात्याचे संचालक प्रमोद बदामी, समाज कल्याण संचालक श्री. अजीत पंचवाडकर आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/417

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.